आकाशवाणी पणजी केंद्रांच्या

25 April 2025

6.30pm

एचएम पाक नॅशनल्स -

पहलगाम आतंकवादी हल्ल्याचे फाटभुयेर, भारतान पाकिस्तानी नागरिकांक दिल्ले व्हिसा रद्द केल्या उपरांत, आता केंद्रीय घरमंत्री अमित शाहा हाणी आयज सगळ्या मुख्यमंत्र्यांकडेन उलोवप करून, तांकां आप-आपल्या राज्यांतल्या सगळ्या पाकिस्तानी नागरिकांची, वळख करपाक सांगलें. तांका बेगोबेग पाकिस्तानांत परत धाडपाची खात्री करपा खातीर, पावलां उबारपाक, मंत्री शाहा हाणी मुखेलमंत्र्यांक सांगलां, अशें सूत्रांनी सांगलें.

अमित शाह सिंधू कबलात -

केंद्रीय घरमंत्री अमित शाह, पाकिस्ताना कडेन 1960 वर्सा जाल्ले, सिंधू उदका कबलाती संबंधात, नवी दिल्लींतल्या आपल्या निवासस्थानार बसका घेतात. पहलगाम आतंकवादी हल्ल्या उपरांत, भारतान सिंधू उदका कबलात स्थगीत केल्या. हे बसकेक विदेश वेव्हार मंत्री डॉ. एस जयशंकर, केंद्रीय जल शक्ती मंत्री सी. आर. पाटील आनी हेर वरिश्ठ सरकारी अधिकारी हाजीर आसात.

आर्मी चीफ श्रीनगर -

लेफ्टनंट गव्हर्नर मनोज सिन्हा हांच्या अध्यक्षतेखाला आयज, श्रीनगरांतल्या राजभवनांत, लश्कर मुखेली जनरल उपेंद्र द्विवेदी हांचे वांगडा सुरक्षा नियाळ बसका जाली. ताचे आदीं लश्कर मुखेली जनरल उपेंद्र द्विवेदी आयज सकाळीं श्रीनगरात पावले. श्रीनगरांतल्या 15 पथकाच्या लश्कर जीओसीन तांका, एकंदर सुरक्षा परिस्थिती आनी आतंकवाद्यां आड केल्ल्या कृती विशीं म्हायती दिली. तशेंच नियंत्रण रेशेचेर पाकिस्तान लश्करान, झुजबंदीचें उल्लंघन करपाचे यत्न केल्ल्याविशी, तांका म्हायती दिली.

बांदिपोरा एन्कावंटर -

जम्मू-काश्मीरांत आयज, उत्तर काश्मीरांतल्या बांदीपोरा जिल्ह्यांतल्या अजसांतल्या, बाझीपोरा कुलनार वाठारांत, चालू आशिल्ल्या आतंकवाद विरोधी कारवायेत आतंकवादी सहकाऱ्याक मारून उडयला. मारून उडयल्ल्या आतंकवाद्याची वळख, लश्कर-ए-तैबा संघटनेचो वांगडी आल्ताफ लल्ली अशी जाल्या. उत्तर काश्मीरांतल्या बांदीपोरा जिल्हयांत, फांतोडेर फारपेट जाल्ल्यान, लश्करी आनी जम्मू-काश्मीर पुलीसांच्या संयुक्त दळांची सोद कारवाय राना वाठारांत चालू आसा. ताचे आदीं दाट राना वाठारांत, आतंकवाद्यांच्या उपस्थिती विशीं विशिश्ट म्हायती मेळ्ळया उपरांत, सुरक्षा दळान घेराव घालून सोद कारवाय सुरू केल्या उपरांत, आतंकवादी आनी सुरक्षा दळा मदीं झगडीं सुरु जाल्ली.

व्हीपी धनखड -

भारत एक घटमुट अर्थवेवस्था आनी मुळावी बांदावळ म्हूण नेटान मुखार सरत आसा, अशें उपराष्ट्रपती जगदीप धनकड हांणी सांगलां. आयच्या तरणाट्यांमदी  फुडारी जावपा खातीर, स्वताक विकसीत करपाची अफाट शक्यताय आसा, अशे तांणी सांगला. आयज राजभवन ऊटी हांगा जाल्ल्या, दोन दिसांच्या कुलगुरू परिशदेंत उलोवप करतना उपराष्ट्रपती धनखड हांणी सांगलें की, विकसीत राष्ट्राखातीर विज्ञान, संशोधन आनी विकासांत फुडारपण हे आमच्याच बळग्याचेर आसप, गरजेचें आसा.

इसरो अध्यक्ष डेथ -

इसरोचे आदले अध्यक्ष आनी भारताच्या राष्ट्रीय शिक्षण धोरणाचे मुखेल शिल्पकार, डॉ. के. कस्तूरीरंगन आयज सकाळीं, बेंगळुरूंतल्या आपल्या निवासस्थानार संवसाराक अंतरलें. ताची पिराय 84 वर्सां असली. इसरोचे अध्यक्ष म्हणून डॉ. के. कस्तूरीरंगन  हाणी, ध्रुवीय उपग्रह प्रक्षेपण वाहन (पीएसएलव्ही) तयार करपाक म्हत्वाची भुमिका साकारली.

आयपीएल -

आयपीएल टी-20 क्रिकेटांत, आयज सांजे चेन्नयच्या एमए चिदंबरम स्टेडियमांत, चेन्नय सुपर किंग्स आनी सनरायझर्स हैदराबाद ह्या पंगडा मदी खेळ जातलो.

सांजे 7:30 वरांचेर ही मॅच सुरू जावपाची आसा.